Panaji National 21st April 2025 8.40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचे उपराष्ट्रपती जेम्स डेव्हिड व्हॅन्स हांचे मजगती आज नवी दिल्लीत चर्चा जातली.

जम्मू-काश्मीरांतल्या पाळसना कोसळिल्ल्या रामबन जिल्ह्यांत आज मदत आणि बचाव कार्य सुरु. काश्मीर डेंगणात आज इशकोला बंद आसात. हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीरातल्या काय सुवातींनी गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आशिल्ल्यान orange alert जारी केला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत 17व्या नागरी सेवा दिसा भौशीक प्रशासनांतल्या उत्कृश्टताये खातीर प्रधानमंत्री पुरस्कार भेटयतले.

डायरेक्ट बेनिफिट ट्रॅंसफर- डीबीटी उपक्रमाक लागून गळती उणी जावन तीन लाख 48 हजार कोटी रुपयां वाचल्या अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां.

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत मुंबय इंडियन्सान चेन्नई सुपर किंग्साक 9 विकेटींनी हारयलो.

US VP – 60

अमेरिकेचे उप्राष्ट्रपती जेम्स डेव्हिड व्हॅन्स चार दिसांच्या अधिकृत भारत भोंवडेर आज नवी दिल्लीत पावतात. ताचे बरोबर तांची घरकान्न लेडी उशा व्हॅन्स, तांचीं भुरगीं आनी अमेरिकेच्या प्रशासनाचे वरिश्ठ वांगडी आसतले.आज सांजवेळार ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां मेळपाचे आसात. हे बसकेंत दोनूय देशां मदले संबंद आनीक खोल करपाचे मार्गांचेर चर्चा जावपाची अपेक्षा आसा.उपराष्ट्रपती आनी ताच्या शिश्टमंडळाचेय दिल्लींत आनीकुय कार्यक्रम आसतले.

US VICE PRESIDENT - JAIPUR VISIT - 90

अमेरिकेचे उपराष्ट्रपती जेम्स डेव्हिड वैंस आयज जयपूराक चार दिसांच्या भोंवडेर येतले. आयज सांजवेळार ते जयपूर शारांत पावतले. जयपुरा बरोबरच ते

आग्राकय भेट दिवपाचे आसा. अमेरिकेचे उपराष्ट्रपती आपली घरकान्न उषा चिलुकुरी बरोबर जयपूराक येतलो आनी ती अमेर महल, सिटी पॅलेस, जंतर-मंतर ह्या जयपूरांतल्या दायज थळांक भेट दिवपाची आसात. अमेरिकेच्या उपराष्ट्रपतींक येवकार दिवपा खातीर ह्या इतिहासीक सुवातींनी खाशेली वेवस्था केल्या.

J& K – 145

जम्मू-काश्मीरांतल्या रामबन जिल्ह्यांत ढगफुटी आणि पाळसना कोसळल्या उपरांत  आज मदत आणि बचाव कार्याक परत सुरवात जाता. काश्मीर देगणाक देशाच्या हेर वाठारां कडेन जोडपी म्हत्वाचो जम्मू-श्रीनगर राष्ट्रीय महामार्ग (NH44) पुरायपणान उक्तो करपाचे यत्न सुरू आसात. जम्मू-काश्मीरांतल्या जायत्या वाठारांनी वादळ, गारपीट,  पाळसना कोसळिल्ल्यान आनी अकस्मात आयल्ल्या  हुंवाराक लागून सफरचंद आनी हेर फळबागांचें व्हड लुकसाण जालां.

काल रामबन जिल्ह्यांत  ढगफुटीक लागून पाळसना कोसळिल्ल्यान  तीगा जाणांक मरण आयलें. भूंयकांपाक लागून जम्मू-श्रीनगर राष्ट्रीय म्हामार्ग बंद आशिल्लो. परिस्थिती लक्षात घेवन, या वाटारांत तैनात आशिल्ल्या  लष्कराच्या तुकड्यांनी बेगोबेग  मदतकार्य सुरू केले आणि अन्न पॅकेट, पिवपाचे उदक आणि वैद्यकीय मदत यासारख्या आवश्यक वस्तूची पुरवण केली. उटनगराच्या पावसाक लागून आयज रामबन जिल्ह्यांत ईशकोला आनी सरकारी संस्था बंद उरतली.

जम्मू-श्रीनगर राष्ट्रीय म्हामार्ग पुरायपणान उक्तो करप हें आयज प्रशासनाचें मुखेल लक्ष आसा अशें रामबनचे उपायुक्त बसेर-उल-हक चौधरी हांणी सांगलां. फुडल्या 48 वरां भितर चडशे ब्लॉक जाल्ले  रस्ते मोकळे करपाचे यत्न सुरू आसात अशें आश्वासन तांणी  दिलें.

PM Civil Service – 40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत 17व्या नागरी सेवा दिसा नागरी सेवकांक उद्देशून उलोवप करतले. तशेंच मोदी 16 अधिकाऱ्यांक भौशीक

प्रशासनांतल्या उत्कृश्टताये खातीर प्रधानमंत्री पुरस्कार दितले. जिल्ह्यांची एकंदर उदरगत, आकांक्षी ब्लॉक कार्यावळ आनी नवनिर्माण ह्या वर्गांत हे पुरस्कार दितले.

PM Saudi – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या साउदी अरेबियाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर जेद्दा शारांत वतले. फाटल्या चार दशकांत साउदी अरेबियाच्या ह्या व्यावसायिक केंद्राक भारतीय प्रधानमंत्र्यांची ही पयली भेट आसतली. हे संबंध एका साध्या सुरुवाती वेल्यान आर्थिक, संरक्षण आणि सांस्कृतिक आयामां मदि विस्तारलेल्या व्यापक धोरणात्मक भागीदारीपर्यंत वाढल्यात. भारत आणि सौदी अरेबिया मदि घटमूट  आणि बहुआयामी आर्थिक भागीदारी आसा. ही भागीदारी शेंकड्यांनी वर्सां पोरन्या संबंदांचेर आदारिल्ली आसा. ही भागीदारी हालींच्या दशकांत उंचेल्या पांवड्यावेल्या आदान-प्रदान आनी धोरणात्मक करारा वरवीं आनीक घटमूट जाल्या.

RBI – 55

फाटल्या चार वर्सांत देशांतलें परकी चलन बाजारपेठ जवळजवळ दोबराद जाला अशें भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी सांगलां. ही म्हायती ताणें बालींत जाल्ले परिशदेंत दिली. फाटल्या कांय वर्सांत भारताच्या अर्थीक बाजारांत चड वाड आनी लवचीकता दिसून आयल्या अशें तांणी सांगलें. हें 2020 वर्सा 32 अब्ज डॉलर आशिल्लें जाल्यार 2024 वर्सा 60 अब्ज डॉलर मेरेन वाडलें.

Ashwini DBT – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या डायरेक्ट बेनिफिट ट्रँसफर- डीबीटी उपक्रमाक लागून गळती उणी जावन तीन लाख 48 हजार कोटी रुपयां वाचल्या अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. भारताच्या डीबीटी प्रणालीचें परिमाणात्मक मुल्यांकन नांवाच्या धोरणपत्राचो उल्लेख करून वैष्णव हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें की ह्या कल्याणकारी वितरण मॉडेला खाला , लावाथ्र्यांचें कव्हरेज 16 पटींनी वाडलां. धोरणपत्रा प्रमाण

2013 वर्सा चालीक लायिल्ले देशांतल्या डीबीटी पद्दतीन पारदर्शकता वाडोवन, गळती आळाबंदा हाडून आनी निधीचें अचूक वितरण सुनिश्चीत करून कल्याणकारी वितरणाची नवी व्याख्या केल्या.

IMD – 95

हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान आनी मुजफ्फराबादांतल्या काय सुवातींनी वादळी वारे, गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आशिल्ल्यान orange alert जारी केला. छत्तीसगड, ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, आनी दर्यादेगेवेल्या आंध्राच्या कांय वाठारांनीय फुडल्या 2 दिसांत गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आसा. आयएमडीन सांगलां की आयज विदर्भांत कालोराच्या ल्हारांची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडले दोन दिसा तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल हांगा हवामान उश्ण आनी दमटची आसपाची शक्यताय आसा. फुडले 5 दिसा वायव्य भारतात चडांत चड तापमानांत ल्हव ल्हव 2-3 अंश सेल्सियस वाड जातली अशें हवामान खात्यान सांगलां.

**SC - WB – MURSHIDABAD - 80**

अस्तंत बंगालांतल्या मुर्शिदाबाद शारांत वक्फ दुरुस्ती कायदो, 2025 आड जाल्ल्या हिंसक निदर्शनांची चौकशी करपाची मागणी करपी जनहित याचिकेचेर आज सर्वोच्च न्यायालयात सुनावणी जातली. सर्वोच्च न्यायालयाच्या निवृत्त न्यायाधीशाच्या फुडारपणा खाला पांच वांगड्यांचो न्यायीक चवकशी आयोग स्थापन करपाची मागणी याचिकेंत केल्या. सर्वोच्च न्यायालयाच्या संकेतथळा प्रमाण न्यायाधीश सूर्य कांत आनी न्यायाधीश एन. सिंग हांच्या खंडपिठा समोर या प्रकरणाची सुनावणी जातली. वक्फ सुधारणा कायद्या आडच्या निदर्शनां वेळार जाल्ल्या संघर्षांबाबत स्थिती अहवाल दाखल करपाचे निर्देश पश्चिम बंगाल सरकाराक दिवचे अशी मागणी याचिकेत केल्या.

BJP Waqf – 65

वक्फ सुधारणा कायद्याच्या फायद्यांबद्दल लोकांक जागरूक करपाखातीर भारतीय जनता पक्षान काल 'वक्फ सुधारणा जनजागरण अभियान' ही देशव्यापी

मोहीम सुरू केली. ही मोहीम 5 मे मेरेन चलतली. हे मोहिमे खाला भाजपाचे फुडारी आनी कार्यकर्ते मुस्लिम समुदाया मदीं वचून तांकां दुरुस्ती कायद्या विशीं जागरूक करतले. ह्या आदी, भाजप अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हाणी विरोधी पक्षांचेर व्होट बँकेचे राजकारण करपाचो आणि सुधारित कायद्यातल्या तरतुदींबाबत मुस्लिमांची दिशाभूल करपाचो आरोप केल्लो.

Kharge Bihar – 100

काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खरगे हाणी काल भारतीय जनता पक्षाचेर समुदायांमदि फूट घालपाखातीर वक्फ सुधारणा कायदो हदिल्ल्याचो आरोप केला. बक्सरांतल्या दलसागर खेळां मैदानाचेर भौशीक बसकेंत उलयतना खर्गे हांणी नवो वक्फ कायदो समाजांत फूट घालपाचें कट आसा असो आरोप केलो. नितीश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा आनी जनता दल युनायटेड युती संधीसाधू आशिल्ल्याचो आरोपूय तांणी केलो.

दुसरे वटेन भाजपान काँग्रेस फुडाऱ्याचो हो आरोप न्हयकारला. भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष डॉ.दिलीप जायसवाल हांणी सांगलें, खर्गे लोकांची दिशाभूल करपाचो प्रयत्न करतात. बिहाराक उदरगती खातीर तीन लाख कोटी रुपयांचें पॅकेज मेळ्ळां अशें तांणी सांगलें.

IPL – 90

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात मुंबय इंडीयन्स पंगडान चेन्नय सुपरिंग्स पंगडाक ९ गड्यांनी हारयले. मुंबय इंडियन्स पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान निर्धारीत २० शटकात ५ बाद १७६ धावंड्यो केल्यो. चेन्नय पंगडान दिल्ले १७७ धावंड्यांचे मोख मुंबई इंडियन्स पंगडान १५.४ शटकात एकूच गडो वगडावन पूराय केले.

ते आदी, चंदीगडात जाल्ल्या आनीक एका खेळात, रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान पंजाब किंग्जचा पंगडाक ७ गड्यांनी हारयले.

आयज कोलकाता नाईट रायडर्स पंगड गुजरात टायटन्स पंगडा आड खेळतलो. कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर सांजे ७.३०क हो खेळ जातलो.